Akashvani Panaji Regional news 7.25 am 22 March

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाँनि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीनच्या फुडारपणा खाला सरकारान आतंकवादाचेर शून्य सहिश्णुताय धोरणाची पुष्टी केल्या अशे सांग्ला. काल राज्यसभेंत घर मंत्रालयाच्या कामगिरीचेर जाल्ले चर्चेंक जाप दितना मंत्रि शाहा हानि फाटल्या धा वर्सांत सरकारान राजकी इत्सा आनी तंत्रगिन्यानाचो वापर करून राष्ट्राची सुरक्षीतताय घटमूट केल्या अशे सांगलें. देशाचा प्रगती आनी उदरगतीक आडमेळीं हाडपी तीन व्हड आव्हानांक तोंड दिवचें पडता- जम्मू-काश्मीरांत आतंकवाद, डावपेचवादी अतिरेकी आनी ईशान्येक बंड. ह्या सगळ्या आव्हानांक सरकारान हाताळ्ळा अशें तनि सांगलें.एनडीए सरकाराच्या काळांत जम्मू-काश्मीरांत आतंकवादाक लागून मरण येवपाचें प्रमाण 70 टक्क्यांनी उणें जालां आनी आतंकवादी घडणुकोय व्हड प्रमाणांत देंवल्यात अशें तांणी नदरेक हाडलें. कलम 370 रद्द करून नरेंद्र मोदी सरकारान संविधान तयार करप्यांचें ‘एक संविधान, एक ध्वज’ हें सपन पुराय केलें अशें मंत्रि शाहा हाँनि नदरेक हाडलें. उरी आनी पुलवामा हांगा जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्या उपरांत धा दिसां भितर भारतान पाकिस्तानाचेर हल्लो केल्ल्यचे तांणी स्पश्ट केलें.फुडल्या वर्सा मार्च मेरेन भारतांतलो नक्सलवाद ना जातलो हाचेर घरमंत्र्यानि भर दिलो. नक्सल बाधित वाठारांनी रस्त्यांची जोडणी आनी इंटरनॅट पावणी सुदारल्या, आनी नवी बँको आनी एटीएम उगडल्यात अशें तांणी सांगलें.

---

गोंय सरकरान अयोध्या गोवा राम निवास बांधपाक सुवात घेतल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. गोयांसावन उत्तर प्रदेशात राम लल्लाचे दर्शन घेवपी भक्ताक थंय रावपाची सुविधा उपलब्ध जावची हया हेतान सुवात घेवन राम निवास बांधपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.राम भक्त निवास बांधपाखातीर सुवात दिलले खातीर मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी उत्तर प्रदेशाचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ तशेंच

उत्तर प्रदेश आवास आनी विकास परीशदेचे उपकार मानल्यात. परशुराम भुमी आशिल्ले गोंय आनी अयोध्या धर्मिक सलोख्यान ह्या निमतान एक जातले, हाका लागुन संस्कृताय, भक्ती तशेचं भारतीय एकात्मतेचे दर्शन जाता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

---

---

---

बेतूल हांगा एका कंपनीच्या दारु साठ्याच्या गुदावाक उजो लागून काल राती स्फोट जाल्या उपरांत दक्षिण गोंय जिल्हा प्रशासनान ह्या वाठारात संचारबंदी जारी केल्या. दक्षिण गोंय जिल्हाधिकारी एग्ना क्लीटस हांणी हो आदेश जारी केलो.बंदुकीचे मॅगझीन तयार करपी एका कंपनीचो हाे गुदाव असून काल जाल्ल्या उज्याच्या घडणुकेत सुमार ६ कोटी रुपयांचे नुकसान जाला. काल राती ही खबर कळ्ळ्या उपरांत उजाे पालोवपी दळान वचून हो उजो आटापाक हाडलो. तरी ह्या वाठारांत सुरक्षेचो उपाय म्हूण ही संचारबंदी लागू केल्या.

---

कॅन्सरा सयत हेर गंभीर दुयेंसांवेलीं वखदां ५० ते ६० टक्के सवाय दरांत उपलब्ध करपाची प्रक्रीया भलायकी संचालनालयान सुरू केल्या. असो प्रस्ताव सरकाराक सादर केला. गोंय वैजकी महाविद्यालय हॉस्पिटलांत लंग्स (फुफ्फुस) कॅन्सरचे तपासणे खातीर ऍस्ट्रा झेनेका वांगडा आशिल्ल्या समजी कायेच्या कबलातीचो विस्तार केला, अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे पणजे पत्रकार परिशदेत दिली. कॉन्फीडेंशिअलीटी प्रायसींग उपक्रमा खाला कंपन्यां कडल्यान ५० ते ६० टक्के सवाय दरांत वखदां उपलब्ध जातात. भलायकी संचालनालयान ह्या प्रस्तावा विशीं चार ते पांच कंपन्यां कडेन उलोवप केलां. ह्या उपक्रमा खाला वखदां विकत घेवपा खातीर मंत्रिमंडळाची मान्यताय घेवप गरजेचें. भलायकी खात्यान हे विशींचो प्रस्ताव सरकाराक सादर केला. खात्याक सवाय दरात वखदां उपलब्ध जाल्यार दुयेतींकूय तीं सवाय दिवप शक्य जातलें. कॅन्सराचीं वखदां बरींच म्हारग आसतात. हाका लागून उपचाराकूय बरोच खर्च जाता, अशें तांणी म्हणलें.

दर्यादेगेचर बेवारशी सुण्यांचे प्रमाण वाडला. कांय जाण सुणी हाडुन दर्यादेग वाटारत सोडटात, ताका लागुन बेवारशी सुण्याचों प्रस्न उप्रासला. ही सुणी भुकेन वळवळील्यान लोकांक तशेंच दर्यादेगेर भोवपाक येवपी पर्यटकांक चावतात, ताका लागुन सरकारान हो प्रस्न जाता तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी गोंय शॅक धनी संघटनेच्या वांगड्यांनी पणजे पर्यटन भवनात पत्रकार परीशद घेवन केल्या. ह्या पत्रकार परीशदे पयली तांणी गोंय पर्यटन खात्याचे संचालक आनी गोंय पशु संवर्धन खात्याक हो प्रस्न जातात तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी केल्या. इतले मजगती गोंय पर्यटन खात्यान बेवारशी सुण्यांचे निर्बिजीकरण तशेंच दुयेत आशिल्या सुण्याचेंर उपचार करपाच्या हेतान फुडल्या सप्तकातल्यान खासा मोहिम चालीक लावपाचो निर्णय घेतला अशी म्हायती पर्यटन खात्याचे संचालक केदार नायक हांणी दिला.